**<u>प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंयचो चित्ररथ</u>**

ता. 22 जानेवारी 2020

नवी दिल्लीत 26 जानेवारी 2020 दिसा प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करतले. गोंयच्या चित्ररथा वरवीं राज्यातल्यो दर्यादेगो, जैवविविधताय आनी जीणेशैलीचे दर्शन घडयतले. राज्य सरकारान गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करपाखातीर मे. विनायक डेकोरेटर्स हांच्या चित्ररथ आराखड्याची निवड करून नवी दिल्लीक संरक्षण मंत्रालयाक धाडिल्लो आनी मंत्रालयाच्या सात बसकांतल्या तज्ञ समितीन ह्या आराखड्याची निवड केल्ली आसा.

गोंयच्या चित्ररथाचे काम 3 जानेवारी सावन नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात चालू आसा. चित्ररथ तयार करपाचे काम 69 कुशळ कामगारांचो पंगड करता. ह्या पंगडात चित्रकार, सुतार, पेंटर, फॅब्रिकेटर आनी हेरांचो आसपाव आसा. राजपथार 23 जानेवारीक चित्ररथांची तालीम जातली.

गोंयच्या चित्ररथा खातीर मुकेश घाटवळ हांणी संगीत जाल्यार श्रीमती सिध्दी देसाय, सोनाली देसाय आनी स्वरा देसाय हांणी नाच बसयला. चित्ररथ मिरवणूकीत कु. शनाया देसाय आनी तनीष नाईक हे बाल कलाकार वाटो घेतले. तशेंच विरेंद्र नाईक, सत्यवान चव्हाण, अतुल राणे, विराज, विनायक नाईक, शेख हुसेन, प्रविण सबनिस आनी मुकेश घाटवळ हे कलाकार मिरवणूकेत कला सादर करतले.

नवी दिल्लीत प्रजासत्ताक संचलनाखातीर गोंयच्या चित्ररथाची अनेक वर्सां सावन निवड जाता आनी पुरस्कारय फावो जाल्ले आसा. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन दर वर्सा गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जाता.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/57

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA